भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# सामुयेल, देवाचो चलो-सेवक



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Lyn Doerksen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

हन्ना एक बरी बायल आशिल्ली, तिचें लगन एल्काना कडेन जालें, एक बरो मनीस. दोगांय देवाची उपासना आनी दुसऱ्यांचेर दयाळपण दाखयताली. पूण हन्नाच्या जिवितांत



कितें तरी उणें आशिल्लें. तिका बाळक जावपाची इत्सा आशिल्ली. आह, तिका बाळक जाय आशिल्लो! तिणें वाट पळयली आनी प्रार्थना केली आनी आशेन आनीक कांय वाट पळयली. बाळक आयलें ना!





दर वर्सा हन्ना देवाच्या तंबूंत
उपासना करपाक वताली.
एक वर्स तिणें देवा कडेन उतर
दिलें की ताणें तिका पूत दिलो
जाल्यार, त्या भुरग्याक
सदांकाळ देवाचो सेवक
जावपाक दितली.



जाण्टो एली याजकान,
हन्नाक मागणें करतना
पळयलें. ताका दिसलें
हन्ना सोरो पियेली कारण
तिचे ओंठ हालताले पूण
आवाज आयलो ना.
एलीन हन्नाक
धिटाय दिली!



पूण हन्नान एलीक भुरग्या
खातीर केल्ली प्रार्थना
आनी देवा कडेन दिल्लें
उतर सांगलें. “शांतीपणान
वच” एलीन जाप दिली.
“आनी इज्रायलाच्या
देवान तुजी मागणी,
विनवणी मान्य करु.”
एलीच्या उतरांनी हन्नाक
आशा मेळ्ळी.

रोखडेंच हन्नाच्या काळजांत व्हड खोस भरली. “देवान तिचो उगडास केलो” आनी तिच्या प्रार्थनेक जाप दिली. तिका आनी एल्कानाक एक ल्हान भुरगो जालो, ताचें नांव सामुयेल (म्हळ्यार “देवान आयकलां”). पूण हन्ना सर्वेस्पराक दिल्लें उतर याद करतली?





हन्नान दर वर्सा तंबूंत वचप बंद केलें. आरे प्रियकर! तिणें देवा कडेन दिल्लें उतर मोडलां काय? ना, सामुयेल तंबूंत रावपाक आनी एलीक देवाचे सेवेंत मजत करपाक व्हड जातकच हन्ना वाट पळयत आशिल्ली. उपरांत तिणें ताका तंबूंत हाडलो.



देवान हन्नाच्या
व्हडल्या विस्वासाक
मान दिलो.
सामुयेला उपरांत
देवान तिका आनीक
तीन पूत आनी दोन
धुवो दिल्लयो. दर
वर्सा हन्ना देवाक
भजपाक - आनी
सामुयेला खातीर
तयार केल्लो नवो
चोळो दिवपाक -
तंबूंत वताली.



सामुयेल हो एलीचो एकलोच आदार न्हय. एलीचे पूत होफनी आनी फिनेहास हेय थंय काम करताले. पूण तांणी वायट कामां करून देवाचो अपमान केलो आनी तांचो बापूय एली तांकां विनवणी करताना लेगीत बदलूंक नाशिल्ले. एलीन तांकां तंबूंत काम करुंक थावन काडून उडोवंक जाय आशिल्लें. पूण ताणें तशें केलें ना.



एके राती, सामुयेलाक ताका आपोवपाचो आवाज आयकलो. त्या भुरग्याक एलीन आपयले अशें दिसलें. “हांगा हांव आसां” ताणें म्हणलें. “हांवें आपोवंक ना” एलीन जाप दिली. अशें तीन फावटीं घडलें. मागीर एलीक कळ्ळें की देव सामुयेला कडेन उलोवंक सोदता.



एलीन सामुयेलाक सांगलें, “तो तुका आपयता जाल्यार तुवें म्हणचें पडटलें, 'प्रभु उलय, तुजो सेवक आयकता.” आनी देवान परतून आपयलो आनी सामुयेलाक एक बरोच म्हत्वाचो संदेश दिलो.

सकाळीं एलीन सामुयेलाक आपयलो. “तुका सर्वेस्परान सांगिल्ली गजाल कितें?” ताणें विचारलें. तरणाटो सामुयेलान ताका सगळें सांगलें. तो एक भयानक संदेश - होफ्नी आनी फिनेहास इतले वायट आशिल्ल्यान देव एलीच्या सगळ्या कुटुंबाचो नाश करपाचो आशिल्लो.



देवाची शिटकावणी साकार जाली. फिलिस्तीनां कडेन झुजा वेळार, एलीच्या दोन वायट पुतांनी इज्रायलाच्या सैन्या मुखार देवाच्या सन्दूकाक फुडाकार दिलो. दुस्मानान सन्दूकाक धरलो आनी जायत्या इज्रायल लोकांवांगडा होफ्नी आनी फिनेहासाक मारलो. हें आयकून एली आपल्या जाग्यावयल्यान पडलो, ताची मान मोडली आनी त्याच दिसा ताका मरण आयलें.



देवाच्या संदुकान फिलिस्तींक त्रास दिले. तांणी तें आपल्या खोट्या देवाच्या दागोनाच्या देवळांत घालें. सकाळीं दागोन मूर्त तोंडार पडून गेल्ली. फिलिस्तीनांनी दागोनाक वयर काडलो - पूण दुसऱ्या दिसा सकाळीं तो परतून सकयल पडलो. हे खेपे दागोनाचे कुडके जाले.





फिलिस्तीनांमदीं दुयेंस आनी मरण
पातळ्ळें. देव तांकां ख्यास्त दिता काय
ना तें पळोवपा खातीर, फिलिस्तीनांनी
दोन गायांक एक गाडी
ओडपाक लायली आनी तातूंत
देवाचो सन्दूक आशिल्लो. पूण
तांणी गायांचीं वासरां फाटीं
दवरलीं. “गाय इज्रायलांत
वचून, आपलीं वासरां हांगा
सोडल्यार, देवान तें केलां हें
आमकां कळटलें” अशें तांणी
सांगलें. आनी गाय
वयर गेली!



मागीर आतां व्हड जाल्लो सामुयेल सगळ्या इज्रायल लोकां कडेन उलयलो. “तुमी सगळ्या काळजान सर्वेस्परा कडेन परतले जाल्यार . . . तो तुमकां पलिस्तीनांच्या हातांतल्यान सोडयतलो.” लोकांनी देवाच्या विस्वासू संदेष्ट्याची आदन्या पाळ्ळीं. सामुयेलाच्या सगळ्या काळार सर्वेस्पराचो हात पलिस्तीनांच्या आड आशिल्लो.

# सामुयेल, देवाचो चलो-सेवक

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

१ सामुयेल १-७

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16